२१-०७-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो :

संसदेचे पावसाळी अधिवेशन आयजसावन सुरू जातले आनी ते २१ ऑगस्टमेरेन चलतले. दोनूंय सभाघरात खंयच्याय महत्त्वाच्या मुद्द्यांचेर चर्चा करपाखातीर सरकार तयार आसा अशें संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हांणी म्हळा.

गोंय विधानसभेचे पावसाळी अधिवेशन आयज सावन सुरू जाता. ते ८ ऑगस्ट मेरेन चलतले.

यूपीआय म्हळ्यार युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेस वरवीं भारत नेटान फारीकणी पद्दतींत संवसारांत सगळ्यात फुडे आसा अशें आंतरराष्ट्रीय नाणे निधी संघटनेन सांगलां.

ह्या आर्थिक वर्साच्या पयल्या तिमाहीत भारतातल्यान इलेक्ट्रॉनिक्स निर्यातीत ४७ टक्क्यानी वाड, अमेरिका, युएई आनी चीनाक सगळ्यात चड निर्यात.

बुडापेस्टात जाल्या पोलाक इमरे आनी वर्गा जानोस मेमोरियल कुस्ती सर्तीत भारतीय खेळगडो सुमितान ६० किलो ग्रीको-रोमन प्रकारात रुप्या पदक मेळयले.

FIDE बायलांच्या बुद्धिबळ संवसारीक कप २०२५ सर्तीत भारताच्या कोनेरू हम्पीन बेसबरो खेळ करुन उपांत्य फेरीयेत पावल घालून इतिहास घडयला.

संसदेचे पावसाळी अधिवेशन - २८०

संसदेचे पावसाळी अधिवेशन आयजसावन सुरू जातले आनी ते २१ ऑगस्टमेरेन चलतले. ह्या काळात एकूण २१ बसका जातल्यो. ऑपरेशन सिंदूर उपरांत संसदेचे हे पयलेच अधिवेशन आसा. अधिवेशनांत करपाचे म्हत्वाचे कायदे आनी हेर काम थारायलां अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें.

संसदेच्या अधिवेशनाआदी, काल सरकारान दोनूंय सभाघरांचे कामकाज सुरळीत चलचे हेखातीर सहकार्य करपाखातीर सगल्या पक्षांची बसका आपयल्ली. लोकसभा आनी राज्यसभेतले वेगवेगळ्या पक्षांचे फुडारी हे बसकेत वाटेकार जाल्ले. केंद्रीय मंत्री आनी राज्यसभेचे सभाघर फुडारी जे.पी. नड्डा हांणी बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळले. संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू, संसदीय कामकाज राज्यमंत्री अर्जुन राम मेघवाल आनी डॉ. एल. मुरुगन लेगित हे बसकेक हाजीर आशिल्ले. तशेच काँग्रेस पक्षाचे गौरव गोगोई आनी प्रमोद तिवारी, राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्ष-शरद पवार गटाच्यो सुप्रिया सुळे, द्रमुक पक्षाचे तिरुची शिवा आनी टीआर बालू, समाजवादी पक्षाचे राम गोपाल यादव आनी आम आदमी पक्षाचे संजय सिंह हांणी हे बसकेत वाटो घेतलो.

सरकार नेमांप्रमाण दोनूंय सभाघरात खंयच्याय महत्त्वाच्या मुद्द्यांचेर चर्चा करपाखातीर तयार आसा अशें संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हांणी म्हळे. बसके उपरांत ते पत्रकारांकडेन उलयताले. ही बसका खूब रचनात्मक आशिल्ली

आनी सभाघराच्या फुडाऱ्यांनी वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर आपलो पक्षाची भुमिका मांडली.

बाइट- किरेन रिजिजू

ऑपरेशन सिंदूरसारख्या महत्त्वाच्या मुद्द्यांचेर संसदेत चर्चा करपाखातीर सरकार पूरायपणान तयार आसा अशेंय तांणी म्हळे. वेगवेगळ्या राजकी पक्षांच्या फुडा-यांनी सभाघराच्या कामकाजात सरकाराक पूराय सहकार्य करपाचे आश्वासन दिले. ऑपरेशन सिंदूरउपरांत भारत आनी पाकिस्तानमदी मध्यस्थी करपाचो अमेरिकेचे राश्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांचो दावो उपस्थित करपाच्या विरोधी पक्षाच्या हेतूविशी रीजीजू हांका विचारले तेन्ना, सरकार ह्या मुद्द्याचेर सभाघरात योग्य ती जाप दितलो अशें तांणी म्हळे. न्यायाधीश यशवंत वर्मा यांच्या महाभियोगाच्या मुद्द्यावर ते म्हणाले की, ही प्रक्रिया सर्व पक्षांच्या सहकार्याने पूर्ण केली जाईल कारण हा केवळ सरकारचा निर्णय नाही. न्यायमूर्ती वर्मा यांना हटवण्याच्या प्रस्तावाला अनेक खासदारांचा पाठिंबा आहे. त्यावर स्वाक्षरी करणाऱ्या खासदारांची संख्या शंभराहून अधिक झाली आहे अशी माहिती श्री. रिजिजू यांनी दिली.

गोंय **अधिवेशन - १२०**

आयज  सावन गोंय विधानसभेचे पावसाळी अधिवेशन सुरू जाता.  अधिवेशना खातीर आमदारां कडल्यान ७५० तारांकीत , जाल्यार ३३३० अतारांकीत प्रस्न  आयल्यात. विरोधकां परस सत्ताधारी आमदारांचो आंकडो चड आशिल्ल्यान सरकार पक्षाचेच प्रस्न चर्चेक येवपाची चड शक्यताय आसा. २१ जुलय ते ८ ऑगस्ट मेरेन चलपी अधिवेशनांत १५ दीस काम चलतलें. अर्थसंकल्पा वांगडा खात्यांच्या मागण्यांचेर चर्चा जावपा वांगडा घरां अधिकृत करपी तीन विधेयका चर्चेक येतलीं.  अधिवेशनांत येवपी सरकारी विधेयकां आजूनय निश्चीत जावंक ना, अशी म्हायती विधीमंडळ कार्यालयान दिल्या. शुक्रार खाजगी कामाचो दीस आसतलो. एकाच दिसा चडांत चड पांच खाजगी प्रस्तावांचेर चर्चा जातली. प्रस्न-जापेच्या सत्रा खातीर लॉट पद्धतीन प्रस्नांची निवड जातली अशें कळटांत ताचेर विरोधी आमदारांनी पयलींच तिडक उक्तायल्या. हातूंत परत सत्ताधारी आमदारांचो आंकडो चड आशिल्ल्यान प्रश्नोत्तरा सयत चर्चे खातीरय सरकार पक्षाच्या आमदारांकूच कामकाजांत चड वेळ मेळपाची शक्यताय आसा.

बिहार पावसाळी अधिवेशन - १३०

बिहार विधानसभेचें पावसाळी अधिवेशन आयजसावन सुरू जातलें. पांच दिसांचें हे अधिवेशन शुक्रारा 25 जुलैयाक सोपतलें. अंदूं ऑक्टोबर-नोव्हेंबरांत विधानसभा वेंचणूक जावपाची आशिल्ल्यान हें पावसाळी अधिवेशन राज्य विधानसभेचें निमाणें अधिवेशन आसतलें. विधानसभा वेंचणुकेचे नदरेन पळयल्यार हें अधिवेशन राजकी नदरेन खूब म्हत्वाचें आनी वादळी आसतलें असो अदमास आसा. सत्ताधारी एनडीए आनी विरोधी पक्ष महागठबंधन हे दोनूय पक्ष फुडल्या वेंचणुके खातीर वातावरण तयार करपा खातीर ह्या अधिवेशनाचो उपेग करतले. विरोधकांनी मांडील्ल्या दर एका प्रस्नाक जाप दिवपाक सरकार तयार आसा अशें संसदीय वेव्हार मंत्री विजय कुमार चौधरी हांणी सांगलें. मतदार वळेरेची सुदारणा पुरायपणान वेंचणूक आयोगाच्या अधिकारक्षेत्रांत आसा आनी हे प्रक्रियेंत राज्य सरकाराची कसलीच भुमिका ना अशेंय तांणी सांगले. मजगतीं, सभाघराचे कामकाज सुरळीतपणान चलोवपाखातीर विरोधकांनी सहकार्य करचें  अशे आवाहन विधानसभा अध्यक्ष नंद किशोर यादव हांणी केलां. तशेंच 2025-26 आर्थिक वर्साचें पूरक अर्थसंकल्प आनी राज्यपालानी मान्य केल्ल्या अध्यादेशांची प्रती सभाघरांत दवरतले अशेंय तांणी सांगलें.

आय एम एफ - ९०

यूपीआय म्हळ्यार युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेस वरवीं भारत नेटान फारीकणी पद्दतींत संवसारांत सगळ्यात फुडे आसा अशें आंतरराष्ट्रीय नाणे निधीन सांगलां. अंदू जून म्हयन्यांत ह्या माध्यमांतल्यान 18 अब्ज 39 कोटी परस चड वेव्हार जाले, जाचें मोल 24 लाख तीन हजार कोटी रुपयां परस चड आसा. फाटल्या वर्साच्या जून म्हयन्याच्या तूळेंत हें 32 टक्क्यांनी चड आसा. वाडत वचपी किरकोळ डिजिटल फारीकणी विशीं आंतरराष्ट्रीय नाणे निधीन हालींच्या काळांत केल्ल्या टिप्पणी प्रमाण यूपीआयन भारताच्या फारीकणी पद्दतींत क्रांती घडोवन हाडल्या. हे माध्यमांतल्यान दर म्हयन्याक 18 अब्ज परस चड वेव्हार जातात अशेंय तातूंत म्हळा.

पाबित्रा मार्गेरिटा - ८०

विदेश राज्यमंत्री पाबित्रा मार्गेरिटा काल सांजे लेसोथोच्या मासेरूत पावले. लेसोथोचे विदेश आनी आंतरराष्ट्रीय संबंध विभागाचे प्रधान सचिव थबांग लेखेला हांणी तांका येवकार दिलो. द्विपक्षीय संबंध आनीक घटमूट करपाचो यत्न करतले अशें हेवेळार एका सोशल मिडिया पोस्टात मार्गेरिटा हांणी सांगले.  ते लेसोथोचे माहिती, संचारण, विज्ञान, तंत्रगिज्ञान आनी नवनिर्माण मंत्री आनी मासेरूत शिक्षण आनी प्रशिक्षण, कामगार आनी रोजगार मंत्री हांची भेट घेवपाची आस्त आसा. तेआदी,  मार्गेरिटा हांणी एस्वातिनीक भेट दिली आनी थंयचे विदेश आनी आंतरराष्ट्रीय संबंध मंत्र्यांची भेट घेतली.

हवामान - ७०

हवामान खात्यान आयज कर्नाटक, हिमाचल प्रदेश, तेलंगणा आनी उत्तराखंडच्या दर्यादेग वाठारात कांय सुवातेर उटंगाराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फुडल्या दोन-तीन दिसांत दिल्ली, हरियाणा, पंजाब, चंदीगड, बिहार, छत्तीसगड, केरळ, माहे, कोकण, गोंय, महाराष्ट्र आनी ईशान्य  राज्यांतल्या खूपश्या वाठारांनी उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला.

अंदमान आनी निकोबार जुयें,  अस्तंत बंगाल आनी सिक्कीमात आयज जगलां आनी पावसाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. २६ तारखेपर्यंत अंदमान आनी निकोबार जुयांचेर जोरदार वाऱ्यांसयत पावस पडण्याची शक्यताय आसा.

बुद्धिबळ संवसारीक कप - ७०

FIDE बायलांच्या बुद्धिबळ संवसारीक कप २०२५ सर्तीत भारताच्या कोनेरू हम्पीन बेसबरो खेळ करुन उपांत्य फेरीयेत पावल घालून इतिहास घडयला. ह्या सर्तीच्या उपांत्य फेरीयेत पावपी ती पयली भारतीय बायल खेळगडे थारल्या. जॉर्जियामध्ये जाल्ल्या क्वार्टरफायनलीत हम्पीन चीनच्या सोंग युचिनाक हारयले. आयज क्वार्टर फायनलीत दिव्या देशमुख आनी हरिका द्रोणवल्ली हांचेमदी खेळ जातलो. हो खेळ भारतीय वेळेप्रमाण सांजे ४:३५ मि.चेर सुरु जातलो. ह्या खेळातली जैतीवंत खेळगडे कोनेरू हम्पी, चीनची लेई टिंगजी आनी टॅन झोंगजीसयत सेमीफायनलीत पावतली.

इलेक्ट्रॉनिक्स निर्यात - ५०

वाणिज्य मंत्रालयाच्या म्हण्ण्याप्रमाण, ह्या आर्थिक वर्साच्या पयल्या तिमाहीत भारतातल्यान इलेक्ट्रॉनिक्स निर्यातीखातीर अमेरिका, युएई आनी चीन हे तीन मुखेल देश म्हूण उदेंताक आयला. ही निर्यात ४७ टक्क्यानी वाडल्या. नेदरलँड्स आनी जर्मनी हे इलेक्ट्रॉनिक्स निर्यातीखातीर हेर मुखेल देशात आसात. भारतातल्यान ६० टक्क्यांपरस चड इलेक्ट्रॉनिक्स निर्यात अमेरिकेक , त्याउपरांत आठ टक्के युएईक आनी सुमार चार टक्के चीनाक केला.

कुस्ती - ६०

हंगेरीच्या बुडापेस्टात जाल्या पोलाक इमरे आनी वर्गा जानोस मेमोरियल कुस्ती सर्तीत भारतीय खेळगडो सुमितान ६० किलो ग्रीको-रोमन प्रकारात रुप्या पदक मेळयले. निमण्या फेरीयेत ताका अझरबैजानच्या निहात मम्मादलीन ५-१ अशे हारयले. ५५ किल ग्रीको-रोमन प्रकारात अनिल मोर हांणे उझबेकिस्तानच्या इख्तियोर बोटिरोव्हाक ७-४ अशें हारोवन कांश्यापदक मेळयले. बुडापेस्ट कुस्ती सर्तीत भारतान तीन भांगरा, तीन रुप्या आनी चार कांश्यापदकांसयत एकूण १० पदका मेळयली.